आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो १४.०१.२०२५

सकाळी ७.२५ वरां

प्रयागराजांतल्या महाकुंभांत मकर संक्रांती अमृत स्नान सुरू आसा. 13 आखाड्यामदीं दरेका आखाड्याक आपलो थारायिल्लो वेळ आनी क्रम कळयला. त्रिवेणी संगमांत महानिर्वाणी पंचायती आखाडा पयली पवित्र न्हाण करतले आनी पवित्र स्नान करपी निमाणो श्री पंचायती आखाडा निर्मल आसतलो. ह्या भव्य कार्यावळी खातीर सुरक्षेची विस्तारान वेवस्था केल्या.

काल पौष पूर्णिमे दिसा संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक मेळावो महाकुंभ सुरू जाल्ल्यान एक कोटी पन्नास लाखां वयर भक्त आनी यात्रेकरुंनी पवित्र न्हाण केले. हेलिकॉप्टरांतल्यान भक्तांचेर फुलांच्यो पाकळ्यो उडयल्यो. महाकुंभ 26 फेब्रुवारी म्हळ्यार महाशिवरात्रि मेरेन चालू उरतलो.

---

स्वतच्या नेतृत्वगुणांक ओळखात,तुमचेभितर आशिल्ल्या ह्या सुप्तगुणांचो विकास करात आनी तुमचो फुडार परजळीत करात अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक केला. ते youth leader conclave कार्यावळीत विकसित भारत ,विकसित गोवा ह्या संकल्पनेचेर मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

राजकीय,सामाजीक,अर्थिक,सांस्कृतीक तशेंच समाजातल्या वेगवेगळ्या मळार आयज नेतृत्व करपी मनशांची गरज आसा,तुमच्या सारखे तरनाटे हीच देशाची खरी संपत्ती,ताका लागुन ह्या मळाचेर नेतृत्व करून विकसीत भारताचे फुडारी तुमच्यातल्यान घडपाक जाय अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला. 12 जानेराक स्वामी विवेकानंद हांची जयंती जाली.ह्या जयंतीच्या फांटभुयेर गोय विद्यापिठन गोयातल्या साबार महाविद्यालयाच्या जोडपालवान मुखेलमंत्र्यावांगडा विद्यार्थ्यांक मुक्त संवाद करपी खासा कार्यावळीचे पणजे दोनापावला राज भवनाच्या सभाघरात आयोजन केले. कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हण अखिल भारतीय विद्यार्थी परीशदेचे

राश्टीय सरचिटणीस विरेंद्र सोलंकी हाजीर आशील्ले. डॉ. वीरेंद्रसिंग सोळंकी हांणी उपस्थितांक संबोधित करतना युवकांमदीं नेतृत्वगुण विकसित करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्वाच्यो आशिल्ल्याचेंआशिल्ल्याचेंसांगलें,जेवरवीं विद्यार्थ्यांच्या नेतृत्वाक चालना मेळटा. विकसित भारत 2047चें स्वप्न साकार करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्त्वाच्यो आसा.

डॉ. सोळंकी हांणी प्रत्येकान स्वामी विवेकानंदांची शिकवण आनी विचारांचे आचरण करून वैयक्तिक विकास करपाची गरज उक्तायली.

---

गोंय आनी कोंकणी सांबाळपा खातीर मनोहरराय सरदेसायचें योगदान उपाट आशिल्लें, अशें राजभास खात्याचे संचालक प्रशांत शिरोडकार हांणी सांगलें.उगते मळब संस्थेन इन्स्टिट्यूट मेनेझीस ब्रागांझा हांच्या जोड पालवान लोककवी सर्गेस्त मनोहराय सरदेसाय हाच्या सन्मानार्थ “पिसोळीं महोत्सव” कार्यावळ घडोवन हाडली . इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा, गोवा कोंकणी अकादेमी आनी राजभास विभाग हाणी आयोजित केल्ल्या कार्यावळीचें उक्तावण राजभास संचालक प्रशांत शिरोडकार हांचे हस्तुकी जाले.कविता वाचन, अल्पक्षरी वाचन, उपरांत मनोहर सरदेसाईचेर कॉलेजींतल्या विद्यार्थ्यां खातीर क्विझ सर्त, गोवा कॉलेज ऑफ मनोहर सरदेसायच्या गितांचेर संगीत कार्यावळ आनी भोवमानाची कार्यावळ जाली.हे वेळार उलयताना प्रशांंत शिरोडकार हांणी उगते मोळब संघटनेची ही कार्यावळ घडोवन हाडपा खातीर केल्ल्या उपक्रमाची तोखणाय केली. गोंय आनी कोंकणी तिगोवन दवरपा खातीर मनोहर सरदेसाईचें योगदान उपाट आसा अशें तांणी सांगलें.

---

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत इयत्ता 8 वीच्या वर्ग प्रवेशाखातीर खंयच्याय मान्यताप्राप्त शाळेत इयत्ता 7 वीच्या वर्गात शिकपी वा इयत्ता 7 वी उत्तीर्ण चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. प्रवेश परीक्षा संबंदीत राज्यांतल्या निवडक केंद्रांचेर आयतार ता. 1 जून 2025 दिसा जातली.

---

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्षण येवजणेची अंमलबजावणी करतात. हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्य कडल्यान 15 जानेवारी 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातीतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थी जांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ पाच लाख रूपया परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमात शिकतात, अशें नियमीत आनी पुर्ण वेळ विद्यार्थ्यी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात.